**गृहनिर्माण संस्थांक नोंदणी शुल्क, स्टॅम्प ड्युटी सवलती खातीर आनीक तीन म्हयन्यांची मुजत वाड**

-

ता. 1 ऑगस्ट 2023

गृहनिर्माण संस्थांक फ्लॅट वा प्लॉटांची जमीन आपल्या संस्थेच्या नांवार करून घेवप शक्य जावचे म्हूण सरकारान नोंदणी शुल्क तशेंच स्टॅम्प ड्युटयेंत दिल्ल्या विशेश सवलतीची मुजत 1 ऑगस्ट 2023 दिसा सावन आनीक 90 दिसां खातीर वाडयल्या. फ्लॅट तशेंच प्लॉटांच्या विक्री वेव्हाराच्या नोंदणी खातीर 1 टक्के शुल्क आसतले. स्टॅम्प ड्युटी लेगीत फकत 1 टक्के आसतली. हे विशींची अधिसुचोवणी सरकारान जारी केल्या.

सरकारान येवजणेची मुजत वाडोवपा वांगडाच नोंदणी शुल्क तशेंच स्टॅम्प ड्युटी आकारपाची प्रक्रिया आनीक सोपी केल्या.

संबंदीत उपनिबंधकांच्या कार्यालयांत 1 मे 2023 सावन विक्रीपत्राची नोंदणी केल्या तांकाच हे विशेश सवलतीचो लाव मेळटलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/591

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.